**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं जेटी टर्मिनल इमारत आनी पर्यटन सुविधांखातीर बुन्याद**

ता. 03 जानेवारी 2022

गोंय राज्याक पर्यटनाच्या मळार स्वयंपूर्ण करपा खातीर दर्जेदार पर्यटन साधनसुविधांचो विकास म्हत्वाचो आसा आनी तो करपा खातीर सरकाराचे यत्न आसात. राज्यांत पर्यटन वाडिखातीर अशां विकास प्रकल्पांची आनी साधनसुविधांची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजे सांतामोनिका जेटीचेर टर्मिनल इमारत आनी पर्यटक सुविधा विकासाखातीर बुन्यादी फातोर बसयले उपरांत पर्यटन खातें आनी गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळान आयोजीत कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

सांतामोनिका जेटीचेर उबारपात येवपी टर्मिनल इमारत आनी पर्यटक सुविधांक लागून गोंयांतल्या पर्यटन सुविधांनी वाड जातली आनी पर्यटनाक उर्बा मेळटली. फुडल्या दोन वर्सांत हो प्रकल्प पुर्ण जातलो आनी तो जागतिक दर्जाचो आसतलो आनी पर्यटकांक ताचो बरो फायदो जातलो. तशेंच पर्यटन खात्याक वर्साक 1.30 कोटी रूपया येणावळ मेळटली. ह्या येणावळीत प्रत्येक तीन वर्सांनी 15 टक्क्यांनी वाड जातली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

सांतामोनिका जेटीचेर टर्मिनल इमारती सयत पर्यटक सुविधां, वेपारी दुकानां, करमणूक सुविधां, जायराती, खावपा-पिवपाचे जीन्नस, गेम्स, पार्किंग, तिकेट कांऊटर, सुरक्षा तपासणी, म्हायती सुविधा आनी हेर सुविधां उपलब्ध करतले.

पणजी म्हापालिकेचे म्हापौर श्री. रोहित मोन्सेरात, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. निखील देसाय आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/06

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji